१५-१०-२०२५

सकाळी : ८.४०

वाचपी: कौस्तुभ आपटे

मुखेल खबरो :

प्रधानमंत्री आनी भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी आयज पक्षाच्या बूथ पावंड्यावेल्या कार्यकर्त्यांकडेन संवाद सादतले आनी बिहार विधानसभा वेचणूकेच्या प्रचाराची सुरुवात करतले.

सांस्कृतिक दायज आनी लोकशायेची मूल्ल्या ही भारत-मंगोलिया संबंधांचो एक घटमूट आदार आसा अशें  राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हळा.

भारत आयज सावन परतून अमेरिकेंक आंतरराष्ट्रीय टपाल सेवा सुरू करतले.

राजस्थानांतल्या जैसलमेर लागसार काल एसी स्लीपर बशीक उजो लागून 20 जाणांक मरण.

अर्दवेळ नोकरी आनी गुंतवणूक फटवणूक आशिल्ल्या संघटीत सायबर गुन्यांवाच्या संबंदांत केंद्रीय तपास ब्युरोन कर्नाटक, तमिळनाडू आनी केरळांतल्या जायत्या सुवार्तींनी धाड घाली.

गुवाहाटीत चलतल्या बॅडमिंटन वर्ल्ड ज्युनियर चॅम्पियनशिप सर्तीत भारताच्या खेळगड्यांनी जैतान आपल्या मोहिमेची सुरुवात केल्या.

## बिहार प्रचार - ८०

प्रधानमंत्री आनी भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी आयज पक्षाच्या बूथ पावंड्यावेल्या कार्यकर्त्यांकडेन संवाद सादतले आनी बिहार विधानसभा वेचणूकेच्या प्रचाराची सुरुवात करतले. मेरा बूथ सबसे मजबूत मोहिमेखाला प्रधानमंत्री मोदी पक्षाच्या कार्यकर्त्यांकडेन संवाद सादतले.

पक्षान काल बिहार विधानसभा वेचणूकेखातीर ७१ उमेदवारांची पयली वळेरी जाहीर केली. एनडीएचो आनीक एक मित्रपक्ष आशिल्ल्या हिंदुस्थानी आवाम मोर्चान लेगित ६ उमेदवारांची वळेरी जाहीर केल्या. दुसरीकडेन, विरोधी पक्षात आशिल्ल्या सीपीआय (एमएल) लिबरेशनान राज्य विधानसभा वेचणूकेखातीर १८ उमेदवारांची वळेरी जाहीर केल्या. मजगती, राष्ट्रीय जनता दल आनी काँग्रेसीमदी जागे वाटपाचेर आजूनूंय कसलोच निर्णय जावंक ना.

## राष्ट्रपती - १४०

सांस्कृतिक दायज आनी लोकशायेची मूल्ल्या ही भारत-मंगोलिया संबंधांचो एक घटमूट आदार आसा अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हळा. काल राष्ट्रपती भवनात मंगोलियाचे राश्ट्राध्यक्ष खुरेलसुख उखना आनी तांच्या प्रतिनिधी मंडळाचे स्वागत करताना राष्ट्रपती मुर्मू उलयताल्यो. दोनूंय देश धोरणात्मक भागीदार आसात आनी आध्यात्मिक दायजान लेगित जोडील्ले आसात. फ़ाटल्या २५ वर्सात

भारतान मंगोलियात वेगवेगळे सांस्कृतिक प्रकल्प पूराय केल्यात, तातूंत बौद्ध मठांचे जीर्णोद्धार आनी प्राचीन हस्तलिखितांचे पुनर्मुद्रण हांचो आस्पाव आसा. भारत चालू प्रकल्प वेळार पूराय करपाखातीर  वचनबद्ध आसा, अशें राश्ट्रपतीनी म्हळे. हे प्रकल्प भारत-मंगोलिया इश्टागत आनी सहकार्याचे दीर्घकालीन प्रतीक म्हणून काम करतले अशें त्यो उलयल्यो. दोनूंय देशांमदले सांस्कृतिक दिवप-घेवप कार्यावळ, संबंध आनीक घटमूट करतले असो विस्वास लेगित राश्ट्रपतीनी उक्तायलो.      भारत मंगोलियावांगडा उदरगत आनी क्षमता-निर्मिती भागीदारीक सर्वोच्च प्राधान्य दिता अशें राष्ट्रपतींनी सांगले. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी वेगवेगळ्या संवसारीक माचेर दोनूंय देशांमदी आशिल्ल्या लागीच्या सहकार्याची तोखणाय केली. बसकेवेळार, दोनूंय फुडा-यांनी द्विपक्षीय संबंध आनीक घटमूट करपाक सहमती उक्तायली.

India Post – 90

भारत आयज सावन परतून अमेरिकेंक आंतरराष्ट्रीय टपाल सेवा सुरू करतले. संचारण मंत्रालयान जारी केल्ल्या प्रसिद्धिपत्रका प्रमाण, इंडिया पोस्टान आतां अमेरिकेच्या कस्टम आनी शिमे संरक्षणा कडेन व्हड प्रमाणांत प्रणाली विकास आनी समन्वय केल्या उपरांत डिलिव्हरी ड्यूटी पेड प्रक्रिया करपा खातीर एक अनुरूप यंत्रणा स्थापन केल्या. नव्या सेटअपाक लागून पुराय नियामक पालन,

बेगीन कस्टम मंजुरी, आनी अमेरिकेंतल्या पत्त्यांक कसलेंच अतिरिक्त शुल्क वा कळाव करिनासतना विनाशिल वितरण सुनिश्चीत जाता अशें मंत्रालयान उक्तायलें.

अमेरिकेच्या प्रशासनान जारी केल्ल्या कार्यकारी आदेशा उपरांत अमेरिकेंत वचपाची टपाल सेवा पयलीं स्थगीत केल्ली.

राजनाथ 40

संयुक्त राष्ट्रांच्या सैन्य योगदान दिवपी देशांच्या प्रमुखांची परिषद (UNTCC) आज नवी दिल्लीत सुरू झाली. परिषदेत उलयताना संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी म्हणाले की, भारत कालबाह्य आंतरराष्ट्रीय संरचनांमदी सुधारणा करपाची वकिली करता कारण काय राष्ट्र। उघडपणान आंतरराष्ट्रीय नियमांचे उल्लंघन करतात, तर काय वर्चस्व गाजवूक इत्सा बाळगीतात.byte

शहा 50

गृहमंत्री अमित शहा हाणी म्हणला की प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणाखाला सरकारान दहशतवादाबद्दल शून्य सहनशीलतेचे धोरण स्वीकारला. देशाक दहशतवादी धोक्यांपासून वाटावपाक खुपशो उपाययोजना केल्यात. हरियाणात मानेसर हांगा राष्ट्रीय सुरक्षा रक्षकाच्या ४१ व्या स्थापना दिसानिमित्त आयोजित कार्यक्रमात उल्यताना शाह म्हणाले की, देशात संघटित गुन्हेगारी आणि दहशतवादाचो फुड़ो करपाक एनएसजी आघाडीर आसा.byte

पी एम आंध्रप्रदेश - ९०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या आंध्र प्रदेशाक भेट दितले. ते नंदयाल जिल्ह्यायातल्या श्रीशैलम हांगासरल्या श्री भ्रामरम्बा मल्लिकार्जुनस्वामी वर्लो देवस्थानम हांगा प्रार्थना करतले. प्रधानमंत्री मोदी श्री शिवाजी स्फूर्ती केंद्राक लेगित भेट दितले. फाल्या दनपारा प्रधानमंत्री कुर्नूलात १३,४३० कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण आनी बुनियादी फातर बसयतले. हे प्रकल्प उद्देग, वीज वितरण, रस्ते, रेल्वे, संरक्षण उत्पादन, पेट्रोलियम आनी सैमिक वायू क्षेत्रांकडेन संबंधित आसात. राज्यात समावेशक सामाजिक-आर्थिक विकास, प्रादेशिक मुळाव्यो सुविधा आनी उदद्देगिकीकरणाक ऊर्बा दिवप हे ताचे मुखेल हेत आसा. प्रधानमंत्री हेवेळार एका जाहीर सभेत लेगित उलोवप करतले.

राजनाथ सिंग - ५०

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज नवी दिल्लींत ब्राझीलाचे उपराश्ट्राध्यक्ष गेराल्डो अल्कमिन हांचे कडेन बसका घेतले. तशेंच ब्राझीलाचे संरक्षण मंत्री जोस म्युशियो मोंटेरियो फिल्हो हेवेळार हाजीर आसतले. हे चर्चेत दोनूय देशांमदल्या संरक्षण संबंदाचो नियाळ घेतले अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलां. लश्करी आनी संरक्षण उद्देग सहकार्या सयत परस्पर हिताच्या प्रस्नांचेरूय हेवेळार चर्चा जातली.

राजस्थान अपघात - १४०

राजस्थानांतल्या जैसलमेर लागसार काल एसी स्लीपर बशीक उजो लागलो आनी 20 जाणांक मरण आयलें आनी 15 जाण जखमी जाले. जयसलमेर-जोधपूर म्हामार्गाचेर दनपारां साडेतीन वरांचेर ही घडणूक घडली. शॉर्ट सर्किटाक लागून हो अपघात घडलो आसूं येता अशें पोकरणाचे आमदार प्रताप पुरी हांणी खबराकारांक सांगलें.

अपघाताच्या वेळार बशींत 50 परस चड लोक आशिल्ले. जखमींक जोधपूरच्या महात्मा गांधी हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात. मरण आयिल्ल्या लोकांची कूड वायट रितीन जळ्ळ्या आनी तांची वळख डीएनए चांचणे वरवीं जातली अशें अधिकाऱ्यांनी सांगलें. जैसलमेर जिल्होधिकारी प्रताप सिंग हांणी बेपत्ता जाल्ल्या प्रवाशांच्या कुटुंबांक जिल्लो प्रशासना कडेन संपर्क सादचो अशें सांगलां. काल सांजवेळार मुखेलमंत्री भजनलाल शर्मा हांणी अपघात जाल्ल्या सुवातेर भेट दिली आनी उपरांत जोधपूर हॉस्पिटलांत जखमींची भेट घेतली.राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी ह्या अपघाताचेर खर दुख्ख उक्तायलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीय हेविशी खर दुख्ख उक्तायलें. केंद्र सरकारान मरण आयिल्ल्यांच्या कुटुंबां खातीर दरेकीं 2 लाख रुपया आनी जखमीं खातीर दरेकीं 50 हजार रुपयांची मजत जाहीर केल्या.

सीबीआय - ८०

अर्दवेळ नोकरी आनी गुंतवणूक फटवणूक आशिल्ल्या संघटीत सायबर गुन्यांवाच्या संबंदांत केंद्रीय तपास ब्युरोन कर्नाटक, तमिळनाडू आनी केरळांतल्या जायत्या सुवार्तीनी धाड घाली. ऑपरेशन चक्र-5 चो एक भाग आशिल्ल्या ह्या कारवायेंत तीगा जणांक अटक केल्या. फटींग ऑनलायन येवजणे वरवीं, लाखांनी रुपयांची फटवणूक केल्ल्याचो आरोप ह्या प्रकरणांत आसा. आरोपी आनी तांचे वांगडी देशभरांत मुखेलपणान बेंगळुरूंत परदेशांतल्या गुन्यांवकारांच्या मार्गदर्शना खाला हे फट कंपनींचें जाळें चलयताले अशें चवकशेंतल्यान स्पश्ट जालां. सायबर गुन्यांवकारांनी डिजिटल जायराती वरवीं फटीच्या येवजण्यांचो प्रचार केलो आनी निधी मेळोवपा खातीर बँक खातीं उक्ती केलीं.

रवी नायक – 55

राज्याचे शेतकी मंत्री आनी आदले मुखेलमंत्री रवी नायक हांका मंगळारा राती काळजा च्या आताकान मरण आयले.तांची पिराय 79 वर्सा आशीललि.

मंगळारा राती काळजाचो आताक आयील्ल्यान तांका फोणेच्या खासगी हॉस्पिटलात उपचाराखातीर दाखल केले. थय तांका दोतोरानी मृत घोषित केले. तांच्या मरणाचेर मुखे लमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दुख उक्तायला.

मुखेलमंत्री, सरकारात मंत्री, खासदार अशी तरेकवार पदा ताणी भुशयल्या.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

हवामान - ७०

आयज आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, दक्षिण भितरल्या कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल ह्या वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा. ह्या म्हयन्याच्या 20 तारखे मेरेन ह्या वाठारांनी अशेंच हवामान येवपाची शक्यताय आसा. तशेंच आयज भितरल्या कर्नाटक, लक्षद्वीप, ओडिशा, तेलंगणा, दर्यादेगेवेल्या कोंकण, गोंय, आनी महाराष्ट्रांत गडगड आनी पावस पडपाची शक्यताय आसा. अरबी दर्या, बंगालच्यो खाडी आनी भोंवतणच्या उदकांत 19 तारखे मेरेन नुस्तेमारांनी वचचे न्हय अशी शिटकावणीय हवामान खात्यान दिला.

बॅडमिंटन - ८०

गुवाहाटीत चलतल्या बॅडमिंटन वर्ल्ड ज्युनियर चॅम्पियनशिप सर्तीत भारताच्या खेळगड्यांनी जैतान आपल्या मोहिमेची सुरुवात केल्या.

चलयांच्या गटात तन्वी शर्मा, उन्नती हुड्डा आनी रक्षिता श्रीआर आनी चल्यांच्या गटात रौनक चौहान, सूर्यक्ष रावत, लालथाजुआला हमार आनी ज्ञान दत्तू टीटी हांणी फुडल्या फेरीयेत पावल घाले. तन्वीन पोलंडच्या व्हिक्टोरिया कालेत्काक हारयले, तर उन्नतीन हाँगकाँगच्या लियू होई अन्नाताक हारयले. रक्षितान कॅनडाच्या लुसी यांग हिका हारयले. रौनक हांणे श्रीलंकेच्या थिसाथ रुपाथुंगाला, सूर्यक्षने तुर्कीच्या यिगित्कन एरोलाक आनी लालथाझुआलान अमेरिकेच्या रायलन टॅनाक हारयले. ज्ञान दत्तून ब्राझीलच्या जोआकिम मेंडोंकाक हारोवन फुडल्या फेरीयेत पावल घाले.